# <u>मुख्यमंत्र्याकडल्यान शिक्षक दिसाची परबीं</u>

ता. 4 सप्टेंबर 2024

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी शिक्षक दिसानिमतान गोंयच्या शिक्षक वर्गाक उर्बेभरीत परबीं भेटयल्या. मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा, आयच्या शिक्षक दिसा निमतान गोंयच्या शिक्षक वर्गाक हांव परबीं भेटयता आनी मुख्यमंत्री वशिश्ठ गुरू पुरस्कार 2023-24 च्या जैतिवंतांक परबीं दितां.

5 सप्टेंबर हो म्हान शिक्षक, तत्वज्ञानी, शिक्षणतज्ञ आनी भारताचे आदले राष्ट्पती डॉ. सर्वपल्ली राधाकृष्णन हांचो वाडदीस आनी दर वर्सा हो दीस शिक्षक दीस म्हूण मनयतात. आमच्या देशांतल्या शिक्षक समाजाचें मनोबल आनी समाजीक स्थिती सुदारपा खातीर तांणी खर यत्न केले.

प्राचीन काळासावन शिक्षकांक आदर्श मानतात. शिक्षक हो युवा आनी विद्यार्थ्यांच्या जीणेक आकार दिता, तांकां गिन्यानाचो उजवाड दिता. एक आदर्श शिक्षक म्हूण सगल्यां शिक्षकांनी आपल्या विद्यार्थ्यांची योग्य जडणघडण करपाक योगदान दिवचें.

शिक्षक दीस मनयतना आमी डॉ. सर्वपल्ली राधाकृष्णन हांच्या उगडासाक आदरपूर्वक आर्गां ओपतात आनी आमच्या राष्ट्राचें निर्माते म्हूण शिक्षकांनी केल्ले म्हत्वाच्या भुमिकेचें स्मरण करतात.

शिक्षक दिसाच्या ह्या प्रसंगार हांव गोंयच्या शिक्षक वर्गाक आवाहन करता की तांणी डॉ. सर्वपल्ली राधाकृष्णन हांची जीण आनी कार्यातल्यान प्रेरणा घेवन समर्पित भावनेन आपले कर्तव्य निभावचें. गोंय राज्यांतल्या समस्त शिक्षकांक हांव परत एक फावट परबीं भेटयता आनी तांकां शुभकामना दिता, अशें मुख्यमंत्री म्हणटा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/469

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.